# माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

## १५-१-२०१६

माननीय सदस्य,

**१.** आता आमी ह्या अधिवेशनाच्या शेवटच्या पावण्याचेर आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप करतात. हें अधिवेशन ११ जानेवारी, २०१६, ह्या दिसा सुरू जाल्ले. एकूण ५ बैठको जाल्यो आनी तातून १९ वरां आनी ३४ मिं. च्या कालावधीन सभागृहान म्हत्वाचे आनी अर्थपूर्ण अशे कामकाज जाले.

**२.** तारीख ११ जानेवारी, २०१६, ह्या दिसा गोंय राज्याचे माननीय राज्यपालांच्या अभिभाषणान ह्या आधिवेशनाची सुरूवात जाल्ली. ह्या उपरांत राज्यपालांच्या अभिभाषणाची प्रत

सभागृहाच्या पटलाचेर दवरली. माननीय राज्यपालांच्या अभिभाषणाखातीर डॉ.प्रमोद सावंत हाणी तांचे आभार मानपी प्रस्ताव मांडलो, जाका श्री. निलेश काब्राल, हाणी अनुमोदन दिले. दिनांक १२ ते १४ जानेवारी, २०१६, दिसामेरेन ५० दुरूस्त्या सयत आभारदर्शक प्रस्तावाचेर चर्चा जाली. ताच्या उपरांत माननीय मुख्यमंत्र्यानी चर्चेक जाप दिली. ह्या प्रस्तावाक सादर केल्ल्यो दुरूस्त्यों मतदानाक घातल्यो आनी त्यो सभागृहान न्हयकारल्यो आनी उपरांत राज्यपालांच्या अभिभाषणावयलो आभारदर्शक प्रस्ताव सभागृहान दि. १४ जानेवारी, २०१६, ह्या दिसा संमत केलो.

**३.** ह्या अधिवेशनाच्या काळान, २४८ तारांकित आनी ५२८ अतारांकित अशी एकूण ७७६ प्रश्नांखातीर सुचना आयल्यो. तातूतल्यान ४७८ प्रश्न सदस्यानी ऑनलायन धाडल्यात. ह्या

अधिवेशनान ६२% सदस्यांनी ऑनलायन प्रश्न धाडले. तारांकित प्रश्न २१२ स्वीकारले आनी २० तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ले १९२ तारांकित आनी ५२८ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभागृहाच्या पटलाचेर दवरल्यो.फाटल्या अधिवेशनातले ४ तारांकित आनी १७ अतारांकित प्रश्न ह्या अधिवेशनान घेतले. २ तारांकित आनी ४ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडें धुकल्ले.

**४.** कामकाज सल्लागार समितीचो प्रथम अहवाल (२०१६) सभागृहा मुखार मांडलो आनी तो संमत केलो.

**५.** हे अधिवेशन म्हज्या आनी माननीय आमदार श्री. विष्णू सुर्या नाईक वाघ हांच्या खातीर खास आशिल्ले कारण ह्या

सभाघराचे सभापती म्हणून म्हजी आनी तांची उप-सभापती म्हणून निवड जाली.

**६.** ह्या अधिवेशनान, २१ शोक निर्देशक सुचना, १ शोक प्रस्ताव आनी ३ अभिनंदनाचे प्रस्ताव आयले ते सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान ४५ कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली. ७ लक्षवेधी सुचना आनी १५ शुन्यकाळाचे उल्लेख ह्या अधिवेशनान आयले.

**७.** सभागृहान संमत केल्ल्या १४ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्याचे सभागृहाच्या निदर्शनाक हाडले. **७** सरकारी विधेयकां सभागृहा मुखार मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केली.

**८.** अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१५–२०१६ (दुसरो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताज्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, २०१६, मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केले.

९. गोंय विधानसभेचे सदस्य श्री. गणेश गांवकर आनी श्री. पांडुरंग मडकईकर हांची द बिल्डींग ॲन्ड अदर कंस्ट्रक्शन वर्कर्स ( रेग्युलेशन ऑफ एम्प्लॉयमेन्ट ॲन्ड कंडिशन्स ऑफ सर्व्हिस) ॲक्ट, १९६६, खाला राज्य सल्लागार समितीचेर नेमणूक जाल्ली आसा.

**१०.** माननीय सदस्या कडल्यान ५ खाजगी प्रस्ताव आयले, सगळ्या प्रस्तावांचेर चर्चा जावन मतदानाक घालून, सदस्यांनी

सरकाराकडल्यान योग्य आश्वासना उपरांत सभागृहाची अनुमती घेवन ते प्रस्ताव फाटी घेतले.

**११.** हे अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे माननीय नेते श्री.लक्ष्मीकांत पार्सेकर, माननीय विरोधी पक्ष नेते श्री. प्रतापसिंग राणे, आनी माननीय उप–सभापती श्री. विष्णू सुर्या नाईक वाघ हांचो खूब मोठो  मोलाचो वाटो आशिल्लो म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे मंत्री, वेगवेगळ्या पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे माननीय आमदार, सहकारी हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकांय धन्यवाद दिता.

१२. विधिमंडळाचे सचिव, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य

सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

१३. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी वर्तमानपत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले. राष्ट्रीय स्थरावयल्या पत्रकारानीय आमकां सहकार्य दिले म्हणून सगळ्या पत्रकारांक हांव मनातल्यान धन्यवाद दिता.

**१४.** आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

**१५.** हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

****************